ज्येश्ठ कलाकारांखातीर केंद्र सरकारची आर्थिक मदत येवजण

ता. 29 ऑक्टोबर 2026

कला आनी संस्कृती संचालनालयान केंद्र सरकारच्या 'ज्येश्ठ कलाकारांखातीर आर्थिक मदत' ह्या येवजणेचो लाव घेवपा खातीर अर्ज मागयल्यात. राज्य सरकाराच्या कला सम्मान येवजणे सारखी ही येवजण आसा. ह्या येवजणे खातीर पात्र जावपाक अर्जदाराची पिराय साठ वर्सां परस कमी आसपाक जायना. तशेंच अर्जदाराची वर्सुकीं येणावळ ताच्या जोडीदाराच्या येणावळी सयत 72,000/- रूपया (वर्साक) परस चड आसपाक जायना. हातूंत लावधारकांक राज्य सरकाराकडल्यान आदीच मेळपी पेन्शन मदत रक्कमेचो आस्पाव ना. पात्र कलाकाराक म्हयन्याक चडात चड 6,000/- रूपया आर्थिक मदत दितले. ही रक्कम राज्य आनी केंद्र सरकार वाटून घेतले.

ज्या कलाकारांक ह्या पयलीच 'कला सन्मान येवजणेचो लाव मेळटा ते कला आनी संस्कृती संचालनालया कडल्यान शिफारस पत्र घेवन वयल्या केंद्रीय येवजणेचो लाव घेवपाक शकतात. जे कलाकार कला सन्मान येवजणेचो लाव घेनात ते विभागीय सांस्कृतिक केंद्र, संस्कृती मंत्रालय (पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर) हांगा थेट अर्ज करून ह्या केंद्रीय येवजणेचो लाव घेवपाक शकतात. इत्सुकांनी चड म्हायती खातीर सोमार ते शुक्रार ह्या कामाच्या दिसांनी कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा संपर्क करचो वा संस्कृती मंत्रालयाच्या https://indiaculture.gov.in/scheme-financial-assistance-veteranartists ह्या वेबसाटाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/674

-

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.